१०-०४-२०२६

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो

CPA

संवसार संसदीय लोकशायीक सर्वोत्तम शासन वेवस्था म्हूण मान्यताय दिता आनी विकसीत भारताचे ध्येय साध्य करपाची व्हड जापसालदारकी तरणाट्या लोक प्रतिनिधींचेर आसा अशें लोकसभेचे सभापती ओम बिर्ला हांणी सांगलें. काल मिरामार पणजी हांगा आयोजीत कॉमनवेल्थ पार्लमेंटरी असोसिएशन (सीपीए), भारत विभाग, झोन-७ (अस्तंत विभाग) परिशदेचे उक्तावण केले उपरांत ते उलयताले.

गोंय, गुजरात ,महाराश्ट्र ही दर्यादेग लाभिल्ली राज्या. दर्यादेगीखातीर खुबश्या आव्हानांक ह्या राज्यांक तोंण दिवचे पडटा. मात तांणी ह्या आव्हानातल्यान संद तयार केल्या आनी स्वतच्या राज्याची उदरगत केल्या . आयज ही तीन्हुय राज्या देशातली सगळ्यातं चड जीडीपी दिवपी राज्या म्हण वळखतात अशे लोकसभेचे सभापती ओम बिर्ला हांणी म्हणला.

आपल्या मतदारसंघाची उदरगत करप ही जण एका लोक/प्रतिनिधीची नैतिक जापसालदारकी आसा, उदरगत करतना अंत्योदय, समाज कल्याण करपाक महत्व दिवपाक जाय, राज्याच्या उदरगतीखातीर गावांक सक्षम करप, तशेंच, आधुनिकीकरणाचो उपेग करतना मानवी संवेदनशीलतायेक महत्व दिवन तशेंच जनमत विचारात घेवन गरेजेप्रमाण नवीन धोरणा, कायदे जावपाक आयच्या लोकप्रतिनिदीनी महत्व दिवापक जाय अशे तांणी म्हणला.

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी वेपार, पर्यटन कॉरिडॉर, शारी साधन सुविधा आनी दर्यादेग वेवस्थापनाक ऊर्बा दिवपा खातीर गोंय, महाराष्ट्र आनी गुजरात राज्यान एकवटान काम करपाची गरज उक्तायली. मुखेलमंत्र्यांनी हे वेळार उपस्थित प्रतिनिधींक राज्य सरकाराच्या चाळीस खात्यावतीन लोकांच्या कल्याणा/खातीर आशीलल्या 240 परस चड येवजण्यो आनी सेवांची म्हायती दिली.

‘विकसीत भारता’च्या संकल्पनेचेर उजवाड घालतना मुखेलमंत्र्यानी सांगलें...

विजय सरदेसाय

फोंडेच्या पोटवेंचणुके खातीर आदर्श आचारसंहिता लागल्या उपरांत गोंय विधानसभेचें गिमाळे अधिवेशन रद्द केल्ले. ही आचार संहिता आता सोपल्या ते खातीर हे अधिवेशन परतून आपोवपाची मागणी करपी एक पत्र गोवा फॉरवर्डचे अध्यक्ष आनी फातोर्डाचे आमदार विजय सरदेसाय हांणी राज्यपाल पुसापती गजपती राजू हांका धाडला.

आदर्श आचारसंहिता लागू जाल्ल्यान कसलीच चर्चा करिनासतना अर्थसंकल्पाक मान्यताय दिल्ली अशें जरी आसले तरी ह्या अधिवेशनात गोंयचे जमनीची राखण करप, न्हंयांची राखण करप, खाजगी उद्देगांत गोंयकारांक अयशी टक्के आरक्षण करप सारकिल्ली म्हत्वाची विधेयकां येवपाची आशिल्ली. पूण अधिवेशन स्थगीत जाल्ल्यान ह्यो चर्चा जावंक शकल्यो नात. ह्या आनी हेर कांय म्हत्वाच्या विधेयकांचेर चर्चा करपा खातीर हें अधिवेशन घेवप गरजेचें अशें सरदेसाय हांणी आपल्या पत्रांत म्हळां.

वेंचणूक रद्द जाल्ल्यान आदर्श आचारसंहिताय काडून उडयल्या. देखून आतां परतून हें अधिवेशन घेवपाक हरकत ना. हें अधिवेशन स्थगीत जाल्ल्यान हे आदी आवाज

उठोवपी पक्षांनीय परतून हें अधिवेशन जावचें अशी मागणी करची अशें सरदेसाय हांणी मागला.

LAIRAI

शिरगांवचे लयराय जात्रेत जावपी भाविकांची गर्दी लक्षांत घेवन, उत्तर गोंय जिल्हो प्रशासनान सुरक्षेच्या नदरेन खर पावलां उबारल्यांत.उत्तर गोंय जिल्लो आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणान शिरगांवांतल्या लईराई जात्रे खातीर स्टॉलांचें नियंत्रण आनी मान्यताय दिवपा खातीर उप-समिती नेमल्या. ही समिती जात्रेवीशी प्रस्तावांची चवकशी करप, मान्य केल्ली मांडावळ चालीक लावप आनी अनधिकृत स्टॉल काडपाक दीवचल उप जिल्होधिकारी हांच्या फुडारपणा खाला पॅनल स्थापन करपाचे काम पळयतली.

ओंकार हत्ती

ओंकार हत्ती परत आयिल्ल्यान पेडणेच्या कडशी मोपा वाठारात आता भिरांत पातळ्ळया. थळाव्या नागरीकांनी काजीनी वचपाचे लेगीत सोडला. जाल्यार ओंकार हत्ती मिरसांग्यांचे रोपे,कवाथे,हरसाण्याची पिकावळ, केळींची नासधूस करता अशे थळावे शेतकार सांगतात. ह्या परीस्थीतीच्या फांटभुयेर काल थळावे आमदार प्रवीण आर्लेकार हांणी ह्या वाठाराची पळोवणी केली.

ओंकार हत्तीचो प्रस्न सुटावो करचो, ताका परत महाराश्टान धाडचो अशी मागणी आपणे रान मंत्री विश्वजीत राणे हांचेकडेन केल्या अशी म्हायती आमदार प्रवीण आर्लेकार हांणी ह्यावेळार दीली.शेतकारांक जाल्ले लुकसाणाच्या फांटभुयेर सरकार अशा शेतकारांक लुकसाण भरपाय दीतले अशे आर्लेकार हांणी म्हळा.

Imd

गोंय वेधशाळेन नोंद केल्ले प्रमाण गोयात चडान चड तापमान 34.5  डिग्री celcius नोंद जाला जाल्यार उण्यात उणे तापमान  24.4  डिग्री celcius इतले नोंद जाला . आयज  गोयांत  उष्ण वा  दमट हवामान असतले असो अदमास लेगित गोंय वेधशाळेन उक्तायला.

आयपीएल

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल कोलकातातल्या ईडन गार्डन्स मैदानाचेर जाल्ल्या खेळात लखनऊ सुपर जायंट्स पंगडान कोलकाता नाइट रायडर्स पंगडाक ३ गड्यांनी हारयले. पयली फलंदाजी करताना कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडान निर्धारित २० षटकांत ४ बाद १८१ धावंड्यो केल्यो.

उपरांत जैताखातीर आशिल्ले १८२ धावांचे मोख, लखनऊ सुपर जायंट्स पंगडान निमण्या शटकात पूराय केले. आयज गुवाहाटीत राजस्थान रॉयल्स आनी रॉयल चॅलेंजर्स बँगलोर पंगडामदी  खेळ सांजे ७.३०क जातलो.